**राजभवन कॅम्पसांत राज्यपालाच्या हस्तुकी दोन प्रकल्पांचे उद्घाटन जाले**

पणजी, 20 डिसेंबर 2023

गोंय मुक्ती दिसाच्या निमतान गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी काल राजभवनाच्या संकुलांत "जलकुंड" आनी "द फौनल बायो डायव्हर्सिटी सेंटराचें" उक्तावण केलें.

राज्यपालांचे सचीव आयएएस श्री. एम. आर. एम. राव, ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले. अधिकारी आनी कर्मचारी नव्या दरबारा हॉला फाटल्यान जलकुंड लागसार जमले. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी सुवाळ्याक सुरवात करपा निमतान "जलकुंड फलक" चें अनावरण केलें. ते उपरांत राज्यपाल "द फौनल बायो डायव्हर्सिटी सेंटरा" च्या नव्या औषधी वाटिकेचे उक्तावण करपाक गेले.

बर्डवॉच ट्रेल्साचेर राजभवनांत सुकण्यांचें शास्त्राचें प्राध्यापक मिनियल शिरोडकार हांच्या मार्गदर्शनां खाला गोंय विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यांनी काडिल्ल्या सुकण्यांच्या फोटोंचेर 03 मिनटांचो मनभुलोवणी व्हिडियो पळोवपाची संद मेळ्ळी. पॅनोरामीक दृश्यांची तोखणाय करपा खातीर आनी पक्षी पळोवपाच्या साधनांचो सोद घेवपा खातीर राज्यपाल "द फॉनल बायोडायव्हर्सिटी सेंटर" च्या वयल्या माळ्यार गेले.

"जलकुंड" आनी "द फौनल बायोडायव्हर्सिटी सेंटरा" च्या उक्तावणा वरवीं पर्यावरण संवर्धनाचो उत्सव मनोवप आनी ताका चालना दिवप हो हे कार्यावळीचो हेतू आसा. राज्याची खाशेली जैवविवीधताय सांबाळपाची आनी दाखोवपाची कटिबद्धताय तातूंत दिसून येता.

तशेंच डब्ल्यूआरडीचे आदले अभियंते श्री. नाझरेथ वाझ, सहाय्यक अभियंते राजेश तारकार, कनिश्ठ अभियंते श्री. शैलेश फळदेसाय, आनी हेर ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

डीआय/एनबी/पीएन/एसएजी/यूएच/2023/

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.